०५.०३.०२०२५  सकाळी ८.४० वरां

आकाशवाणी पणजी केंद्र, प्रादेशिक खबरा विभाग

राष्ट्रीय खबरो

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज रोजगारा विशींच्या अर्थसंकल्पा उपरांतच्या वेबिनारांत व्हिडियो परिशदेवरवीं वांटो घेतले. लोकांत, अर्थवेवस्थेत, आनी नवनिर्मणेत गुंतवणूक करप  हे वेबिनाराचे मुखेल विशय आसात. प्रधानमंत्री ह्या ह्या निमतान मेळाव्याक मार्गदर्शन करतले. रोजगार निर्मिती हो सरकाराचो एक मुखेल लक्ष केंद्रीत वाठार आसा. प्रधानमंत्र्यांच्या दृश्टीकोनाक लागून सरकारान नोकऱ्यो वाडपाक आनी रोजगारा खातीर आनीक मार्ग तयार करपा खातीर जायतीं पावलां उबारल्यांत. वेबिनार सरकार, उद्देग, शिक्षणतज्ञ, आनी नागरिकां मदीं सहकार्याक चालना दितलो तशेच परिवर्तनकारी अर्थसंकल्पीय घोशणां प्रभावी परिणामांत रुपांतरीत करपाक मदत करपाक चर्चांक प्रोत्साहन दितलो. टिकावू आनी समावेशक वाड, तंत्रगिन्यान आनी हेर क्षेत्रांत फुडारपण, आनी 2047 मेरेन विकसित भारताचें ध्येय साकार करपा खातीर वावुरपी कुशळ, कर्मचारी तयार करपाचो हेतू हातुंत आसपावित आसतलो.
- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी काल गुजरातांतल्या जामनगरांत वंतारा - वन्यजीव संवर्धन, बचाव आनी पुनर्वसन करपी खाशेल्या उपक्रमाचे उक्तावण केलें. समाजीक टिकावूपण आनी रानवटी जनावरांच्या कल्याणाक चालना दितनाच ह्या उपक्रमाक लागून जनावरांक सुरक्षीत आलाशिरो मेळटा अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत म्हणलां. वंतारा सारको यत्न खऱ्या अर्थान तोखणायेचो आसा अशें तांणी सांगलें.  धर्तरेचेर आमचे वांगडा रावपी सगळ्या जिवांची राखण करपाची आमच्या शेंकड्यांनी वर्सां पोरन्या परंपरेची ही एक प्रोत्साहन दिवपी देख आशिल्ल्याचे प्रधानमंत्र्यानी सांगले. तशेंच वंतारा भेटी वेळार तांकां एक हती दिसलो आनी तो आम्लाच्या म्हळ्यार ॲसिड हल्ल्याक बळी पडिल्लो. हेर हत्तीं वांगडा त्या हत्तीचेर उपचार चालू आशिल्ले अशेय ताणी सांगले. तशेंच ह्या यत्नाक

लागून उद्देजक अनंत अंबानी आनी तांच्या पुराय पंगडाची प्रधानमंत्र्यानी तोखणाय केली.

- पंचायती राज मंत्रालय आयज नवी दिल्लींत जावपी राष्ट्रीय अधिवेशनांत बायलांक अनुकूल आदर्श ग्राम पंचायती सुरू करतले. हो उपक्रम मंत्रालयाच्या आंतरराष्ट्रीय बायलां दीस 2025 उत्सवाचो एक भाग आसा. दरेका जिल्ह्यांत उण्यांत उणी एक बायलांक अनुकूल ग्रामपंचायत स्थापन करप हो ह्या उपक्रमाचो मुखेल हेत आसा. लिंग संवेदनशील आनी चलयांक अनुकूल शासन पद्दती खातीर हे एक  म्हत्वाचे पावल आसतले. पंचायती राज राज्यमंत्री Prof. S. P. सिंग बाघेल, भलायकी आनी कुटुंब कल्याण राज्यमंत्री अनुप्रिया पटेल आनी संयुक्त राष्ट्रांच्या लोकसंख्या निधी सारकिल्या वेगवेगळ्या मंत्रालयां, विभागां, आनी आंतरराष्ट्रीय संघटनांचे हेर प्रतिनिधी ह्या कार्यावळींत वांटो घेतले.
- विदेश व्यवहार मंत्री डॉ. एस. जयशंकर हांणी लंडनांतल्या 10 डावनिंग स्ट्रीट हांगा ब्रिटनाचे प्रधानमंत्री केयर स्टारमर हांकां भेट दिवन द्विपक्षीय अर्थीक सहकार्याक मुखार व्हरपा विशीं आनी लोकां मदीं दिवप घेवप वाडोवपा विशीं चर्चा केली. हे बसके उपरांत जयशंकर हांणी सोशल मिडियाचेर पोस्ट करत प्रधानमंत्री स्टारमर हाँची भेट घेतल्याविशी खोस उक्तायली. युक्रेन संघर्शा विशीं प्रधानमंत्री स्टारमर हाणी ब्रिटनाचो दृष्टीकोन सांगलो असोय उल्लेख जयशंकरान केला. उपरांत मंत्री जयशंकर हाणी ब्रिटीश समपदस्थ विदेश व्यवहार सचीव डेव्हिड लॅमी हाची भेट घेतली. एक्सचेर केल्ल्या पोस्टांत जयशंकर हांणी केंटांतल्या चेवेनिंग हाऊसांत येवकार दिल्ल्या खातीर लॅमी हाँचे उपकार मानले आनी फुडले चर्चे खातीर आपली उमेद उक्तायली. हाचे आदीं जयशंकर हांणी ब्रिटनाची घर सचीव यिव्हेट कूपर हांचे कडेन लंडनांत बसका घेतली.
- केंद्रीय इलेक्ट्रॉनिक्स आनी म्हायती तंत्रगिन्यान मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी बेल्जियमाची राजकन्या एस्ट्रिड हांच्या फुडारपणा खाला नवी दिल्लींत शिश्टमंडळाची भेट घेवन नितळ तंत्रगिन्यान, संरक्षण आनी इलॅक्ट्रॉनिक्स सयत हेर वाठारातल्या सहकार्याचेर चर्चा केली. बसके वेळार तांणी गांवगिऱ्या वाठारांनी युनिफायड पेमेंट्स इंटरफेसाचो म्हळ्यार यूपीआयचो परिवर्तनकारी

परिणामूय सांगला, जाका लागून समावेशक उदरगत घडटा अशे काल सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत श्री वैष्णव हांणी सांगलें.

- अमेरिकेचे राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांणी आपल्या तीन व्हडल्या वेपारी भागीदारांचेर व्हड कर लायल्यात, ताका जाप दितना मेक्सिको, कॅनडा आनी चीनान रोखडेंच प्रतिकारात्मक कर लायले. काल रातीं अमेरिकेन मेक्सिको आनी कॅनडांतल्यान आयात केल्ल्या वस्तूंचेर 25 टक्के शुल्क लायलें पूण कॅनडांतल्यान उर्जा आयात करपाचेर 10 टक्क्यां मेरेन शुल्क मर्यादीत केलें. ट्रम्प हांणी फाटल्या म्हयन्यांत चीनी उत्पादनांचेर घाल्लो दर दुपेटीन म्हळ्यार 20 टक्के केलो. कॅनडाचो प्रधानमंत्री जस्टीन ट्रूडो हाणें पत्रकार परिशदेंत दरवाडांचेर अमेरिकेचे दावे न्हयकारले. अमेरिकेन आपलो सगळ्यांत लागींचो भागीदार आनी इश्ट कॅनडा आड वेपारी झुज सुरू केलां अशें तांणी सांगलें. फुडल्या 21 दिसांत आपलो देश 100 अब्ज डॉलर परस चड मोलाच्या अमेरिकन वस्तूंचेर शुल्क लागू करतलो अशें ट्रूडो हांणी सांगलें.
- पाकिस्तानांत मंगळारा उत्तर-अस्तंत खैबर पख्तुनख्वा वाठारातल्या बन्नू छावणीचेर जाल्ल्या आत्मघाती हल्ल्यांत चार भुरग्यां सयत उण्यांत उण्या 12 जाणांक मरण आयलें आनी 30 जाण जखमी जाले. पुलिसांनी दिल्ले म्हायती प्रमाण दोन स्फोटक भरिल्ल्या गाडयानी छावणीच्या शिमेवयल्या वण्टीक धपको दिल्ल्यान सांजे स्फोट जालो. हाफिज गुलबहादुरा कडेन संबंदीत आशिल्ल्या जैश अल फुर्सन ह्या दहशतवादी गटान ताची जापसालदारकी घेतल्या. छावणीत घुसपाचो यत्न करपी स आतंकवाद्यांक लश्करान निश्क्रीय केले आनी निवळावणी कारवाय चालू आसा.
- फुडल्या दोन दिसांत दिल्ली-एनसीआर वाठाराक वराक 20-30 किलोमीटर अश्या नेटान बारे व्हावतले असो अदमास भारतीय हवामान खात्यान उक्तायला. हिमाचल प्रदेश आनी उत्तराखंडाक हो वाठार लागीं आशिल्ल्यान थय बर्फ पडपाचो आनी पावसाचो थेट परिणाम जावपाक लागिल्ल्यान हवामानांत अचकीत जाला. तशेच, भारतीय हवामान खात्यान अरुणाचल प्रदेशांतल्या कांय वाठारांनी बारीक पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. फुडल्या दोन दिसांत उपहिमालय, अस्तंत बंगाल आनी सिक्किमात लेगीत अशीच हवामानाची स्थिती निर्माण जावपाची शक्यताय आसा. फुडल्या दोन

दिसांत उत्तर-अस्तंत भारतात चडांत चड तापमानांत दोन ते चार अंश सेल्सियस ल्हव ल्हव वाड जातली अशें हवामान खात्यान सांगलें. तशेच, बंगालच्या खाडीच्या दक्षिण-अस्तंत भागांत, खास करून श्रीलंकेच्या दक्षिण दर्यादेगेर, लागसारच्या कोमोरीन वाठारांत आनी महाराष्ट्र आनी गुजराताच्या उत्तर दर्यादेगेर आयज नुस्तेमारांनी वचचे न्ही अशी शिटकावणी भारतीय हवामान खात्यान दिल्या.

- आयसीसी चॅंपियंन्स ट्रोफी आंतरराश्ट्रीय क्रिकेट सर्तीत काल दुबयत जाल्ल्या सेमिफायनलीत भारतान ऑस्ट्रेलियाक 4 गड्यांनी हारोवन फायनलीत पावल घाले. ऑस्ट्रेलियान भारतामुखार जैताखातीर २६५ धावंड्यांचे मोख दवरील्ले. ऑस्ट्रेलियाचो कर्णधार स्टीव्ह स्मिथ हांणे ७३ धावंड्यो केल्यो. तशेच अॅलेक्स कॅरीन ६१ धावंद्यो केल्यो.भारताच्या मोहम्मद शमीन तीन तर वरुण चक्रवर्ती आनी रवींद्र जडेजान दरेकी दोन गडे बाद केले.
- इंडियन सुपर लीग फुटबॉल सर्तीत काल रात्री जवाहरलाल नेहरू स्टेडियमात जाल्ल्या खेळात एफ सी गोवा पंगडान मोहम्मदन एससी पंगडाक २ आड ० अशें हारयले. ह्या जैतासयत एफ सी गोवान दुसरी सूवात निश्चित केल्या. एफसी गोवा आता २३ खेळातल्यान ४८ गुण आसात, मोहन बागान २३ खेळातल्यान ५३ गुणांसयत पयल्या सुवातेर आसात. जमशेदपूर एफसी पंगड आयज ओडीशा पंगडा आड खेळतलो. जमशेदपूरातल्या जेआरडी टाटा स्पोर्ट्स कॉम्प्लेक्स स्टेडियमात सांजे ७.३०क हो खेळ जातलो.